**पुराभिलेख खात्याकडल्या जमीन दाखल्यांचें रोखडेंच डिजिटलायजेशन- श्री. फळदेसाय**

ता. 10 ऑक्टोबर 2022

पुराभिलेख खात्याकडेन आशिल्ल्या सगळ्यां दाखल्यांचें रोखडेच डिजिटलायजेशन जातले, जेणे करून जमीनच्या दाखल्यांनी फेरफार करून दुसऱ्यांच्यो जमनी बळकावपाची प्रकरणां बंद जातली, अशें पुराभिलेख खात्याचे मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज पाटो पणजी हांगा संस्कृती भवनात पुराभिलेख खात्यान आयोजीत मोडी-मराठी लिपितल्या दाखल्यांच्या खास प्रदर्शनाचें उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

पुराभिलेख खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, पुरातत्व खात्याचे संचालक श्री. निलेश फळदेसाय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री. फळदेसाय हांणी फुडें म्हणलें, पुराभिलेख खात्याकडेन आशिल्ल्या जमनीच्या दाखल्यांनी फेरफार करून दुसऱ्यांच्यो जमनी आपल्या नावार करपाच्यो घडणूको राज्यांत घडल्यात. दाखल्यांचे डिजिटलायजेशन जाल्यार अशी प्रकरणां जावची ना आनी लोकांच्यो जमनी सुरक्षीत उरतल्यो. तशेंच सांस्कृतीक मुल्यां आनी इतिहासाचेय जतन जातले, अशें तांणी सांगलें.

इतिहासीक दाखल्यांचे डिजिटलायजेन करपा खातीर खास सॉफ्टवेअर तयार करपाची प्रक्रिया चालू आसा. डिजिटलायजेन केल्ले दाखले लोकांक सोपेपणी पळोवपाक वा तपासपाक मेळटले, अशेंय तांणी सांगलें.

मोडी-मराठी दाखल्यांचे खास प्रदर्शन आयोजीत केल्ले खातीर श्री. फळदेसाय हांणी खात्याचें अभिनंदन केले आनी ह्या प्रदर्शनातल्यान नव्या पिळगेक मोडी-मराठी संस्कृतीची वळख जातली. मोडी लिपितल्या दाखल्यांचो अनुवाद करपा खातीरय खात्याचो प्रयत्न आसतलो, अशें तांणी सांगलें.

मोडी-मराठी दाखल्यांच्या प्रदर्शनात पेशवा माधवराव, हेर मराठा आनी महाराष्ट्रातल्या संस्थांनीकांनी जमीनीचे तंटे, शांतीकायेचे प्रस्ताव, पोर्तुगीज आनी मराठा संबंद आनी हेर विशयांसंबंदीत पोर्तुगीज वायसरॉय आनी हेर अधिकाऱ्यांक धाडिल्ल्या साबार पत्रांचो आस्पाव आसा. हे प्रदर्शन 16 ऑक्टोबर 2022 मेरेन लोकांखातीर उकते आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/624

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji